**राज्यपाला हस्तुकीं खेळगड्यांचो भोवमान**

ता. 24 फेब्रुवारी 2020

राज्यपाल श्री. सत्यपाल मलीक हांचे हस्तुकीं हालीच राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात 65 व्या राष्ट्रीय शालेय सर्त-2019-20 तल्या पदक जैतवंत खेळगड्यांचो रोख रक्कम आनी प्रशस्तीपत्र भेटोवन भोवमान जालो. 65 व्या राष्ट्रीय शालेय सर्तींच्या वेगवेगळ्या खेळांनी गोंयचे प्रतिनिधीत्व करपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 90 पंगडांची निवड केल्ली. ह्या सर्तींत गोंयच्या खेळगड्यांनी 8 भांगरा पदकां, 11 रूप्या पदकां आनी 31 कास्यां पदकां मेळोवन राज्याक नावलौकिक मेळोवन दिलो.

राज्यपालान पदक जैतवंत खेळगड्यांचे अभिनंदन करून फुडारात व्हड यश जोडपा खातीर खर कश्ट घेवपाक सांगले. राज्यपालान आपल्या जम्मू-काश्मीर राज्यपाल पदाच्या काळात सरकारान योग्य खेळां सुविधां आनी प्रशिक्षण सुविधां उपलब्ध करून जम्मू-काश्मीरातल्या खेळगड्यांक खेळांनी यश जोडपाक मदत केल्ल्याचे सांगले.

पयलीच्या काळार खेळा परस शिक्षणाक चड महत्व दिताले, पुण आयज परिस्थितीत बदल जाला आनी तरणाटी पिळगी खेळाकडेन कॅरियर म्हुण पळयतात. त्याखातीर खेळगड्यांनी शालेय शिक्षण आनी खेळामदी समतोल राखपाची गरज राज्यपालान उकतायली. नवोदीत खेळगड्यांनी आपल्या खेळात यश मेळोवपा खातीर नेमान सराव करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

मुख्य सचिव श्री. परिमल राय, राज्यपालाचे सचिव श्री. रूपेश कुमार ठाकुर, शिक्षण सचिव श्रीमती निला मोहनन, खेळां सचिव श्री. संजय कुमार आनी खेळां संचालक श्री. शशांक मणी त्रिपाठी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/162

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA